**Panaji national news 21 dec 2025,6.30pm**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र**

आसामाच्या डिब्रुगढ जिल्ह्यांतल्या नामरूपांत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 10,601 कोटी रुपयांच्या सारें प्लांटाची बुन्याद घाली. साऱ्याचें उत्पादन घटमूट करप आनी ह्या वाठारांतल्या शेतकी वाडीक आदार दिवप हो प्रकल्पाचो हेतू आसा. ह्या प्लांटांत वर्सुकी 12.7 लाख मेट्रीक टन युरिया उत्पादन क्षमता आसतली. ह्या संदर्भार उलयतना श्री मोदी हांणी सांगलें, आसामाच्या साऱ्याची गरज भागोवपा वांगडाच हो प्लांट शेजारच्या राज्यांक सेवा दितलो, सारें आयातीचेर आदारून रावप उणें करतलो, रोजगाराची भरपूर संद निर्माण करतलो आनी ह्या वाठारांतल्या उद्देगीक उदरगती खातीर उत्प्रेरक म्हणून काम करतलो.

**मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान**

उद्देजकता, रोजगार आनी उदरनिर्वाहाचें एक बळिश्ट इंजिन म्हणून विद्युत मोबिलिटी उदेता अशें केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान सांगलां. आयतारा नवी दिल्लींत जाल्ल्या इलेक्ट्रीक व्हीकल (ईव्ही) एक्स्पोक भेट दितना ते मिडिया कडेन उलयताले. सरकाराच्या आदारान चलपी पर्यावरण प्रणालीक लागून तरणाटे उद्देजकांक मात्शी गुंतवणुकींनी ईव्ही संबंदीत उपक्रम सुरू करपाक आनी तांकां चड उलाढालीचे उद्देग करपाक मेळ्ळां अशें तांणी सांगलें. इलेक्ट्रीक मोबिलिटी ही नवनिर्माणा वरवीं वाड, आत्मनिर्भरताय आनी टिकावू उदरगती खातीर एक आशादायक मार्ग दाखयता अशें डॉ सिंगान सांगलें.

**भारतीय अंतरिक्ष संशोधन**

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटना बिरेस्तारा ब्लूबर्ड ब्लॉक-2 हो संचारण उपग्रह प्रक्षेपण करतली. अमेरिकेच्या एएसटी स्पेसमोबायलाचो उपग्रह हो एलव्हीएम3-एम6 हातूंतल्या सकयल्या धर्तरेच्या कक्षेंत पावपी सगळ्यांत व्हडलो वेपारी संचारण उपग्रह आसतलो. हो फुडले पिळगेंतल्या ब्लूबर्ड ब्लॉक-2 संचार उपग्रहांचो भाग आसा, जी मानक मोबायल स्मार्टफोनाक थेट अवकाश आदारीत सेलुलर ब्रॉडबँड जोडणी दिवपा खातीर तयार केल्ली आसा. प्रक्षेपण वाहन मार्क-३ वा

एलव्हीएम३ हें इसरोन तयार केल्लें तीन टप्प्यांचें प्रक्षेपण वाहन आसून, पयलीं चंद्रयान-२ आनी ३ आनी ७२ उपग्रहां व्हरपी दोन वनवेब मिशन प्रक्षेपण करपाखातीर वापरताले. तशेंच फाटल्या म्हयन्यांत जाल्लें एम 5-सीएमएस-03 मिशन येसस्वीपणान साध्य केलें.

**मंत्री शिवराज सिंग**

विक्षित भारत जी राम जी विधेयक हें मनरेगाचें फुडलें पावल, उदरगत आनी गरीबांच्या फायद्या खातीर अशें केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रीमंडळान सांगलें की, विधेयकांतल्यान गांवगिऱ्या घरांतल्या प्रौढ वांगड्यांक 125 दिसांची पगार रोजगाराची हमी दिल्या, जी आदल्या येवजणे खाला 100 दिसांच्या काळा परस चड आसा. कामाची वाटप ना जाल्यार बेकारी भत्तो आनी पगाराक कळाव जाल्यार अतिरिक्त रक्कम दिवपाचीय तरतूद ह्या विधेयकांत आसा अशी म्हायती श्री चौहानान दिली. शेतकी काळांत अडचणींक तोंड दिवपी शेतकारांकय तातूंत तजवीज आसा असो उल्लेख तांणी केला. ह्या विधेयकाक 1.51 लाख कोटी परस चड रुपया प्रस्तावीत केल्यात अशें मंत्री हांणी सांगलें. पंचायती सचीव, रोजगार सहाय्यक, आनी तंत्रीक कर्मचाऱ्यांक वेळार आनी फावो तो पगार दिवपा खातीर प्रशासकीय खर्चा खातीर ह्या विधेयकांत वाडिल्लो वाटो 6 टक्क्यां वयल्यान 9 टक्क्यां मेरेन आसा अशें श्री चौहान हांणी सांगलें.

**मंत्री शिवराज सिंग चौहान**

संसदेच्या फुडल्या अधिवेशनांत सरकार बनावट सारें आनी कीटकनाशकां आड विधेयक मांडटले अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. चुकीचे टॅगा खाला वेशभूषा करून बनावट सारें, कीटकनाशकां आनी हेर अनधिकृत जैव उत्तेजकांची विक्री जाल्ल्यान तांणी हुस्को उक्तायला. श्री चौहान हांणी सांगलें, खर कायदे जातले, आनी बेईमान वेपाऱ्यां आड खर कारवाय जातली.

## डॉ मनसुख मांडवीय

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळ मंत्री डॉ मनसुख मांडवीय हांणी सांगलें, आयज सायकलाचेर आयज लोकां मदीं एक आवड आनी संस्कृताय जाल्या. आयज आयज आयतार सायकल कार्यावळीच्या पयल्या वर्धापन दिसा निमतान प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना डॉ मंडवीयान सांगलें, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला फिटनेस वाडोवपा खातीर आनी मोटापा आड झुजपा खातीर हो उपक्रम सुरू केला.

## सुरक्षा दळ

केंद्रीय गृह मंत्रालयान शिमेचेर सुरक्षा दळांत हवालदार भरती करपा खातीर माजी अग्नीवीरांचो कोटा 10 टक्क्यां वयल्यान 50 टक्क्यांनी वाडयला. गॅझेटीच्या अधिसुचोवणे प्रमाण माजी अग्नीवीरांच्या पयल्या गटाकय पांच वर्सां मेरेन पिरायेची वयली शिथीलताय मेळटली, जाल्यार उरिल्ल्या माजी अग्नीवीरांक तीन वर्सां मेरेन शिथीलताय मेळटली. माजी अग्नीवीरांक भौतिक मानक चांचणी आनी शारिरीक कार्यक्षमताय चांचणेंतल्यानय सुट दितले अशें अधिसुचोवणेंत म्हणलां.